PM- Leaders Dialogue 2025

नवी दिल्लींत राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान जावपी विकसित भारत युवा फुडारी संवाद 2025 ह्या कार्यावळींत तरणाट्यांक प्रेरीत करपा खातीर तयार केल्ल्या जायत्या कार्यावळींनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज वांटेकार जाले. मोदी हांणी एका प्रदर्शनाक भेट दिवन तरणाट्या फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादलो.

तीन दिसांची ही कार्यावळ शुक्रारा सुरू जाली, तातूंत तरणाट्यांक विकसित भारता खातीर अभिनव उपाय सादर करपाची एक आगळीच माची मेळ्ळी. तंत्रगिन्यान, टिकावूपण, बायलां सशक्तीकरण, उत्पादन, शेती अशा विंगड विंगड धा विशयांचेर वांटेकारानी बरयल्ल्या उत्कृश्ट निबंदांच्या संकलनाचे प्रकाशन करपाचे मोदी हाणी थारायला. विकसित भारत संवाद तरणाट्या फुडाऱ्यांक धोरण निर्माते, राष्ट्रीय आनी जागतीक व्यक्तिमत्वा कडेन थेट संपर्क सादपाची तेच बरोबर राष्ट्राचो फुडार घडोवपा खातीर आपले विचार मांडपाची संद दिता.

ISRO

भारतीय अंतराळ संशोधन संघटनेन आपल्या दोन उपग्रहांक गोदी करचे पयलीं स्पॅडेक्स कार्यावळीखाला स्थीर करपाच्या मळार म्हत्वाची प्रगती केल्या. चेझर आनी टार्गेट उपग्रहांक परतून सुरक्षीत अंतराचेर व्हरचे पयलीं 3 मीटर अंतराचेर हाडपाक ताका येस मेळ्ळें. उपग्रहांतल्या ऑनबोर्ड कॅमेऱ्यांनी घेतिल्ले फोटो इसरोन शेअर केल्यात. म्हायती विश्लेशण केल्या उपरांतच गोदी प्रक्रिया करतले अशें भारतीय अंतरिक्ष एजन्सींतल्यान ट्विट केलां. अमेरिका, रशिया आनी चीना उपरांत हो पराक्रम साध्य करपी भारत चवथो देश आसतल. इसरोन विकसीत केल्ली देशी भारतीय डॉकिंग पद्दत येसस्वी जाल्यार इस्रोक आपल्या प्रस्तावीत

भारतीय अंतराळ स्टेशनाचेर काम करपाक आनी भारतीय अंतरिक्षयान चंद्राचेर देंवून चंद्राचे कण घेवन परत हाडून चंद्रयान 4 मिशन पुराय करपाक प्रेरण दितली

National Youth day

दर वर्सा 12 जानेवारीक व्हड आध्यात्मिक, तत्वगिन्यानी आनी विचारवंत फुडारी स्वामी विवेकानंद हांच्या यदिन राष्ट्रीय युवा दीस मनयतात. ताचें प्रेरणादायक जिवीत आनी सशक्त करपी संदेश तरणाट्यांक तांच्या संपनाचें संवर्धन करपाक, तांचीं उर्जा मेकळी सोडपाक आनी ताच्या कल्पिल्ल्या आदर्शांक आकार दिवपाचें आवाहन करता.

राष्ट्रपती, उपराष्ट्रपती आनी प्रधानमंत्री हांणी स्वामी विवेकानंदाच्या जल्मदीसा निमतान तांका आर्गां ओंपली

S. Jayshankar

अमेरिकेचे 47वे राष्ट्रपती म्हणून वेंचून आयिल्ले डोनाल्ड ट्रम्प हांच्या सोपूत घेवपाच्या सुवाळ्यांत भारतचे विदेशी वेव्हर मंत्री डॉ.S जयशंकर भारतचे प्रतिनिधित्व करतले.

हो सुवाळो ह्या म्हयन्याच्या 20 तारखेक जातलो. ह्या भेटी वेळार डॉ. जयशंकर प्रशासनाचे प्रतिनिधी आनी कार्यवाळीक हाजीर आशिल्ल्या हेर मानेस्ता कडेन बसका घेतले

Mega Entrepreneurship Development Conclave

केंद्रीय नुस्तेमारी, पशुपालन आनी दुग्ध मंत्री राजीव रंजन सिंग फाल्यां पुण्यांत मेगा उद्देजकता विकास परिशदेचें उक्तावण करतले. ह्या वेळार श्री सिंग 545 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या 40 पशुधन प्रकल्पांचें उक्तावण करतले. पशुधन क्षेत्राची तांक उक्ती करपा खातीर धोरण निर्माते, महासंघ, सहकारी संस्था, उद्देगीक संघटना, उद्देजक आनी वित्तीय संस्था एकठांय हाडप हो ह्या परिशदेचो हेत आसा. तशेंच ह्या क्षेत्रा खातीर वाड उत्प्रेरक करपा खातीर आव्हानां विशीं चर्चा करपाक, उपायांचेर चर्चा करप आनी उद्देजकतेक चालना दिवपाक भागधारकांक हि परिषद एक माची दीतली.

Chhattisgarh encounter

छत्तीसगडांत आयज सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या चकमकींत तीन माओवाद्यांक मरण आयलें. बीजापूर जिल्ह्यांतल्या नॅशनल पार्क वाठारांत वाठारांत माओवाद्यांच्या हाजिरे विशीं गुप्तचर म्हायती मेळ्ळ्या उपरांत सुरक्षा दळांचो संयुक्त पंगडाची सोद कारवाय सुरु आशिल्ली. ह्या कारवाये वेळार आयज सकाळीं बंदूक झुजांत तीन माओवादी मेले. सुरक्षा दळाक थंयच्यान स्वयंचलित शस्त्रां सयत व्हड प्रमाणांत शस्त्रां आनी दारुगुळो मेळ्ळा. ह्या वाठारांत अजून सोद कारवाय चालू आसा.

Mahakumbh

भावार्थ आनी मनीसपणाचो सगळ्यांत व्हडलो संगम म्हळ्यार महाकुंभा फाल्यां उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत सुरू जातलो. ह्या भव्य कार्यावळीक हाजीर रावपी

यात्रेकरुं खातीर सगळी वेवस्था आसा. महाकुंभाक हाजीर रावपा खातीर लोक व्हड प्रमाणांत शारांत पावपाक लागल्यात. संस्कृती मंत्रालयान प्रयागराजांत कलाग्राम तयार केला, जातूंत देशाची गिरेस्त आनी दोलायमान संस्कृताय दाखयतले. केंद्रीय संस्कृती आनी पर्यटन मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत आयज सांजवेळा कलाग्रामाचें उक्तावण करतले.

.

**WOMEN'S HOCKEY INDIA LEAGUE**

भारताच्या बायलां हॉकी लीगांत आयज सांजवेळार रांचींत जावपी सर्तीच्या सुरवातीच्या खेळांत दिल्ली एसजी पायपर्स , ओडिशा वॉरियर्स आड खेळटले. मॅच रातच्या 8:40 वरांचेर सुरू जातली. भारताच्या बायलां हॉकी लीगाचे पयले आवृत्तींत Delhi SG Pipers, Odisha Warriors, Shrachi Rarh Bengal Tigers, and Soorma Hockey Club अशे चार पंगड आसतले. 15 दिसांचो लीग टप्पो 24 जानेवारी मेरेन चलतलो आनी फायनल 26 जानेवारीक जावपाची आसा. दरेक पंगड हेर पंगडा आड दोन फावटीं खेळटलो . रांचींत 11 खेळ जातले जाल्यार दोन खेळ रौरकेला हांगाच्या बिरसा मुंडा हॉकी स्टेडियमांत जातले.

---------